# <u>गृह आधार लावधारकांनी हयातीचो आनी उत्पन्नाचो दाखलो दिवपाची सक्ती</u>

ता. 18 फेब्रुवारी 2020

बायलां आनी भुरगीं उदरगत संचालनालयान गृह आधार येवजणेच्या लावधारकांनी प्रत्येक वर्सा हयातीचो दाखलो आनी संबंदीत मामलेदारा कडल्यान घेतलेलो उत्पन्नाचो दाखलो दिवप सक्तीचे केला. हे दाखले दर वर्सा ज्या म्हयन्यात लावधारकाक गृह आधार येवजणेचो लाव मंजूर जाला, त्याच म्हयन्यात संबंदीत तालूका बायलां आनी भुरगीं उदरगत संचालनालयाच्या कचेरीत दिवपाक जाय. तशेंच लावधारकाच्या बँक खात्याक आधार कार्ड जोडिल्ले आसपाक जाय.

तशेंच लावधारकान आपल्या बँक खात्यात जमा जाल्ली रक्कम सतत स म्हयने काडली ना जाल्यार जमा केल्ली रक्कम संबंदीत बँक अशी रक्कम डिमांड ड्राफ्टाच्या माध्यमातल्यान बायलां आनी भुरगीं उदरगत संचालनालया कडेन वळयतली.

जर गृह आधार येवजणेची अर्जदार मूळ गोंयाभायली आसल्यार आनी ती गोंयकार व्यक्तिकडेन लग्न जाल्ली आसत जाल्यार तीणे आपल्या जल्म दाखल्याची प्रमाणीत प्रत आनी गोंयातल्या एका वर्साचो राबीतो दाखलो नवऱ्याच्या 15 वर्सांच्या राबीतो दाखल्या वांगडा जोडपाक जाय.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/150

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA